## जनगणना अधिकाऱ्यां खातीर दोन दिवसांचो प्रशिक्षण कार्यक्रम जालो

ता. 9 फेब्रुवारी 2026

जनगणना संचालनालय, गोंय आनी नियोजन, सांख्यिकी आनी मूल्यांकन संचालनालय, गोंय राज्य जनगणना नोडल विभागान जिल्हा आनी अतिरिक्त प्रभारी पांवड्या वयल्या जनगणना अधिकाऱ्यां खातीर दोन दिवसांचो प्रशिक्षण कार्यक्रम आयोचीत केल्लो. पर्वरी हांगा सचीवालयाच्या सेमिनार हॉलांत आयोजीत प्रशिक्षण कार्यक्रमाचे उक्तावण मुख्य सचीव डॉ. व्ही. कांदवेलू, आयएएस हांचे हस्तुकीं जालें.

प्रशिक्षण कार्यक्रमाच्या उक्तावण सत्राक राज्य जनगणना नोडल अधिकारी आनी सचीव (नियोजन) श्री एस.एस. गिल, सचीव (पंचायत) आनी जनगणना संचालक श्रीमती चेष्टा यादव, जिल्हाधिकारी आनी राज्याच्या तीनय जिल्ह्यांचे मुखेल जनगणना अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

प्रशिक्षण सत्रात अधिकाऱ्यांक जनगणना प्रक्रियांची तपशीलवार म्हायती, डिजिटल साधनांचो प्रभावी वापर आनी तांची भूमिका आनी जबाबदारी विशी तशेंच अचूक डेटा संकलन, डेटाची गुणवत्ता आनी जनगणनेचे काम वेवस्थीत जावपा खातीर प्रशिक्षण आनी तयारी हे विशा मार्गदर्शन केले.

गोंयांत जनगणनेचो पयलो पांवडो 16 एप्रिल ते 15 मे 2026 मेरेन जातलो. जनगणना 2027 खातीरच्या पयल्या पांवड्यार 33 पद्दतीचें प्रस्न विचारून म्हायती एकटाय करतले. प्रशिक्षण कार्यक्रमात अधिकाऱ्यांक जनगणना प्रक्रियेविशी मार्गदर्शन केले. वैयक्तिक कुटुंबांक तांचे जनगणना फॉर्म ऑनलाइन भरून सादर करपा खातीर तयार केल्ल्या स्वयं-गणना पोर्टलाचीय अधिकार्यांक म्हायती करून दिली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/113

--

-------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.